११-०६-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

मुखेलमंत्री -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 11 वर्सा कार्यकाळाच्या सरकारान देशाक स्वच्छ भारतासयत भ्रश्टाचारमुक्त भारत दीला अशे विधान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.मोदी सरकाराक 11 वर्सा पुय जावपाच्या फांटभुयेर आयोजीत पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.
सेवा, सुशासन, गरीब कल्याण, विकसीत भारत,सर्वोदय,अंत्योदय आनी ग्रामोदयाक मोदी सरकारान ह्या 11 वर्सात महत्व दीला अशे गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामु नायक हांणी म्हणला.

जन मन - ५०
प्रधानमंत्री जन मन येवजणेवरवी पेडणे आनी निरंकाल वाठारातल्या वानरमाऱ्यांक समाजिच्या मुखेल प्रवाहात हाडपाक गोंय सरकार काम करतले अशी घोशणा मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताना ताणी म्हळे..... (byte)
स्वच्छ भारतावांगडांच भ्रश्टाचार मुक्त भारत करपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन महत्व दीला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.गोंयच्या आदीवासी समाजाच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान लेगीत सरकार काम करता अशे तांणी म्हळा.

Byte- cm

जीएमसी - ६०
मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हस्तक्षेप केल्या उपरांत गोय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या दोतोरांनी पुकारील्लो संप आयज फाटी घेतला. आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोमेकाॅत वचुन डीन शिवानंद बांदेकार, तशेंच दोतोरावांगडा दनपरा बसका घेतली.ह्या बसके उपरांत आता दोतोरानी संप फाटी घेतला अशे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे डीन धोतोर शिवानंद बांदेकार

हांणी जाहीर केला. Byte गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय हाॅस्पीटलाच्या दोतोरांनी दवरील्लो सात मागण्यो मुखेलमंत्र्यानी मान्य केल्या.

उपकरणां उक्तावण - ११०

गुन्यांवांच्या तपासांत ह्यान फुडें गोंय पुलिसां वतीन चडांत चड प्रमाणांत तंत्रज्ञानाचा वापर जातलो. तंत्रज्ञानाच्या वापरांत हेर राज्यांचे तुळेंत गोंय कायमचें मुखार उरतलें अशें प्रतिपादन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलें. पुलीस मुख्यालयांत मुखेलमंत्र्यां हस्तुकीं स्पॉट द स्कॅम आनी रेडीकल कंटेन्ट एनालयजराचें उक्तावण केलें. हीं दोनूय उपकरणां बिटस पिलानीच्या विद्यार्थ्यांनी तयार केल्यांत.

पश्चीम विभागीय राज्यांचे बसकेंत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी रेडीकल कंटेन्ट एनालायजरची तोखणाय केल्ली. हेर राज्यांय ह्या उपकरणांचो वापर करतले.

हवामान - ४०

गोंयात १२ जून ते १६ जून मजगती पावस पडपाची शक्यताय गोंय वेदशाळेन उक्तायला. गोंयातल्या कांय वाठारांनी उटंगाराच्या पावसाचीय शक्यताय गोंय वेधशाळेन उक्तायला. १५ जून मेरेन उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंयात विजेसयत गडगड आनी ३० ते ४० किमी प्रतीतास ते ५० किमी प्रतितास किमी नेटान वारे मारपाचीय शक्यताय आसा.

एएफसी आशियाई कप - ५०

कोवलूनात काल जाल्ल्या महत्त्वाच्या एएफसी आशियाई कप पात्रताय फेरीयेत भारताच्या फुटबॉल पंगडाक यजमान हाँगकाँगान १ आड ० अशें हारयले.हाँगकाँगच्या स्टीफन परेरान चौराण्यवाव्या मिनिटाक गोल करताना जैत निश्चित केले. हा हारेक लागून भारताची सौदी अरेबियात जावपी २०२७ च्या आशियाई कपखातीर पात्रताय मेळोवपाची शक्यता धोक्यात आयल्या. फिफा क्रमवारीत लेगित भारत १३३ व्या सुवातेर देवूं शकतात.